०५.०१.२०२६        ८.४० वरां

आकाशवाणी पणजी केंद्र,   प्रादेशिक खबरा विभाग

राष्ट्रीय खबरो

२०१४ सावन खेळा मळार भारताच्या कामगिरीत सातत्यान  सुधारणा जायत आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळां.

चीनाक फाटी घालून भारत संवसारांत तांदळाचो सगळ्यांत व्हडलो उत्पादन करपी देश जाला अशे केंद्रीय शेती मंत्री शिवराज सिंग चौहान हाणी सांगला.

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिन्ह आयज गोयांत प्रदुषण नियंत्रण जहाज - समुद्र प्रतापाचे उक्तावण करतले.

अमेरिकेन व्हॅनेझुएलांत केल्ल्या लश्करी कारवायेचेर चर्चा करपाखातीर  संयुक्त राष्ट्र सुरक्षा परिषद आयज आपत्कालीन बसका घेतली.

दिल्ली विधानसभेचें शिंयाळी अधिवेशन आयज सुरू जातलें.

भारताच्या आयुश ह्या पारंपारीक वैजकी पद्दतीक ओमान आनी न्यूझीलंड हांचे कडेन जाल्ल्या द्विपक्षीय वेपार करारांत औपचारीक मान्यताय मेळ्ळ्या अशें वाणिज्य मंत्रालयान सांगलां.

भारतीय हवामान खात्यान फाल्यां मेरेन दिल्ली, चंडीगढ, उदेंत उत्तर प्रदेश, हरियाणा, मध्य प्रदेश, ओडिशा आनी पंजाब वाठारांचेर सामके दाट धुकें पडपाची शिटकावणी दिल्या.

२०१४ सावन खेळा मळार भारताच्या कामगिरीत सातत्यान  सुधारणा जायत आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळां. तांणी उत्तर प्रदेशांतल्या वाराणसींत आयज 72व्या राष्ट्रीय व्हॉलीबॉल सर्तीचें व्हिडिओ परिषदे वरवीं उक्तावण केले, त्या वेळार ते उलयताले. 2036 वर्सा ऑलिंपिक खेळां सर्तीचें आयोजना खातीर भारत एक प्रबळ दावेदार आसा अशें तांणी सांगलें. तांच्या सरकारान राष्ट्रीय खेळा प्रशासन कायदो आनी खेलो भारत धोरण २०२५ ह्या सारख्या उपक्रमां वरवीं  खेळां मळार जायत्यो सुदारणा आनी  बदल केल्यात अशें तांणी मुखार सांगले. देशाचें खेळां मॉडेल आतां खेळगडे केंद्रीत जालां, ताका लागून 2014 वर्सा सावन खेळगड्यांच्या यशात लक्षणीय वाड जाल्या अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. खेळां मळार सरकाराच्या यत्नांचेर भर दितना मोदी हांणी सांगलें, सरकार वेगवेगळ्या मळांचेर काम करता, जातूंत प्रतिभा वळखप,योग्य प्रशिक्षण,पोशक आहार दिवप आनी पारदर्शक निवड प्रक्रिया हांचो आस्पाव जाता.

चीनाक फाटी घालून भारत संवसारांत तांदळाचो सगळ्यांत व्हडलो उत्पादन करपी देश जाला. ही गजाल केंद्रीय शेती मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी काल नवी दिल्लींत सांगली. भारतांत

तांदळाचें उत्पादन 150.18 दशलक्ष टन जालां, जाल्यार चीनांतलें 145.28 दशलक्ष टन जाल्ल्याचे मंत्री चौहान हांणी सांगलें. भारत आतां विदेशांतल्या बाजारांत तांदळाची पुरवण करता अशेय ताणी मुखार सांगले.

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह आयज गोंयात प्रदूषण नियंत्रण जहाज समुद्र प्रतापचे उक्तावण करतले. हे तटरक्षक दलाचे पयले स्वदेशी बनावटीचे जहाज आसा. सुमार ११५ मीटर लांबायेचे, हे जहाजाचे ६० टक्क्यांपरस चड  घटक स्वदेशी बनावटीचे आहेत. ४,२०० टन वजनाच्या ह्या जहाजाचो वेग ताशी २२ नॉट्सपरस चड आसा आनी ते एका वेळार  ६,००० नॉटिकल मैल प्रवास करूंक  शकता. हे जहाज सागरी प्रदूषण नियंत्रण, सोद  आनी  बचाव कार्यात मजत करतले आनी देशाच्या खासा आर्थिक क्षेत्राचे संरक्षण सुनिश्चित करतले . फाटल्या वर्सा  डिसेंबरात  ते औपचारिकपणे तटरक्षक दलाकडेंन  सोपयल्ले. समुद्र प्रतापच्या आस्पावान  भारतीय तटरक्षक दलाची कार्यक्षमता वाडटली  आनी  दर्या  सुरक्षा, पर्यावरण संरक्षण आनी  देशांतर्गत संरक्षण उत्पादनाक  चालना  मेळटली  .

राष्ट्रीय राजधानींत जाल्ल्या कार्यावळींत भारतीय शेतकी संशोधन मंडळान विकसीत केल्ल्या 25 शेतकी पिकांच्या 184 सुदारीत जातींचे मंत्र्यानी अनावरन केले. १८४ जातींत १२२ कड्डणां, ६ दाळी, १३ तेलबिया, ११ चारा पिकां, ६ ऊंस, २४ कापूस, आनी दरेकीं एक जूट आनी तंबाखू हांचो आस्पाव जाता.

अमेरिकेन व्हॅनेझुएलांत केल्ल्या लश्करी कारवायेचेर चर्चा करपाखातीर  संयुक्त राष्ट्र सुरक्षा परिषद आयज आपत्कालीन बसका घेतली. परिशदेचो अस्थायी वांगडी आशिल्ल्या कोलंबियाच्या विनंतीचेर ही बसका आपयल्या आनी चीन आणि रशिया या स्थायी सदस्यांनी ताका तेंको दिला. व्हॅनेझुएलाच्या संयुक्त राश्ट्रांतल्या कायमस्वरूपी मिशनान अमेरिकेच्या कारवायेचेर टीका करत आपत्कालीन बसका आपोवपाची मागणी करपी पत्र सुरक्षा परिशदेक धाडिल्ले.

व्हॅनेझुएलांतल्या हालींच्या घडामोडीं विशीं भारतान खोलायेन हुस्को उक्तायला. व्हॅनेझुएलाचे परिस्थितीचेर भारत बारीकसाणेन नदर दवरन आसा अशें परराश्ट्र मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां. भारतान व्हॅनेझुएलाच्या लोकांच्या हिताक आनी सुरक्षे खातीरय तेंको उक्तायलो. ह्या वाठारांत शांतताय आनी स्थिरताय तिगोवन दवरपा खातीर सगल्या पक्षांनी सगले प्रस्न शांततायेन सोडोवपाक जाय अशें भारतान सांगलां.मजगतीं, व्हॅनेझुएलाची राजधानी कराकसांतलें भारतीय दूतावास भारतीय समुदायाच्या संपर्कांत आसा आनी शक्य तितली मजत करता.

भारताच्या आयुश ह्या पारंपारीक वैजकी पद्दतीक ओमान आनी न्यूझीलंड हांचे कडेन जाल्ल्या द्विपक्षीय वेपार करारांत औपचारीक मान्यताय मेळ्ळ्या अशें वाणिज्य मंत्रालयान सांगलां. डिसेंबर 2025 वर्सा जाल्ल्या दोनूय करारांत भलायके संबंदीत सेवा आनी पारंपारीक वैजकी सेवा

हांचे विशीं परिशिश्ट आस्पावित केल्यात. आयुश आनी वनस्पती उत्पादनांची निर्यात 6.11 टक्क्यांनी वाडल्या, 2023-24 वर्सा 649.2 दशलक्ष अमेरिकन डॉलर आशिल्ली ती 2024-25 वर्सा 688.89 दशलक्ष डॉलर जाल्या.

भारतीय हवामान खात्यान फाल्यां मेरेन दिल्ली, चंडीगढ, उदेंत उत्तर प्रदेश, हरियाणा, मध्य प्रदेश, ओडिशा आनी पंजाब वाठारांचेर दाट ते सामके दाट धुकें पडपाची शिटकावणी दिल्या. हवामान खात्यान फुडल्या दोन दिसांत अस्तंत बंगाल, उत्तर उदेंत भारत, उपहिमालयन अस्तंत बंगाल आनी झारखंडाच्या कांय वाठारांनी दाट धुक्याचो अदमास उक्तायला. ह्या म्हयन्याचे 9 तारकेमेरेन हिमाचल प्रदेश आनी उत्तराखंडाचेर अशीच परिस्थिती आसपाची शक्यताय आसा. तशेंच फुडल्या तीन दिसांत दिल्ली, पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ, झारखंड आनी राजस्थानाचेर शियेच्या ल्हारांचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. बिहार आनी उत्तराखंडात आयज दिसभर थंडी आसू येता. मजगतीं, दिल्ली-एनसीआरांतल्या हवेचो दर्जो निर्देशांक वायट वर्गांत चालूच आसा. केंद्रीय प्रदुशण नियंत्रण मंडळाच्या म्हणण्या प्रमाण राष्ट्रीय राजधानीचो सरासरी हवेचो दर्जो निर्देशांक आयज सकाळीं 7 मेरेन 266 जाला.

दिल्ली विधानसभेचें शिंयाळी अधिवेशन आयज सुरू जातलें. चार दिसांचें अधिवेशन ह्या म्हयन्याचे 8 तारखे मेरेन चालू आसतलें. अधिवेशनांत प्रदुशण, पर्यावरण, आनी शीश म्हाल प्रकल्पा संबंदीत कॅगचो अहवाल तशेंच दिल्ली जल मंडळा सयत वेगवेगळ्या विशयांचेर चर्चा जातली.

काल ग्रेटर नोयडा हांगा जाल्ल्या एलिट दादले तशेंच बायलांच्या राष्ट्रीय बॉक्सिंग वस्ताद पण 2018 वर्साच्या आशियाई खेळां सर्तींत भांगरा पदक जिखपी अमित पांगल आनी हरियाणाच्या सागरान जैत मेळयलें. बँटमवेट वर्गांत खेळपी अमितान बिहाराच्या उस्मान मोहम्मद सुलतानाक हारोवन जैत मेळयलें. हेवीवेट वर्गांत सागरान केरळच्या एडविनाक हारायले . दादले आनी बायलांची एकाच सुवातेर जावपी ही पयलीच राष्ट्रीय चैंपियनशिप. ह्या चैंपियनशिपांत देशभरांतले 600 दादले तशेंच बायलो बॉक्सिंग खेळगडे 10 वेग-वेगळ्या वजन वर्गांत वांटो घेतात.

विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस जयशंकर कालसावन फ्रांस आनी लक्सेंबर्गाच्या अधिकृत भेटेर आसात.सप्तकभर चलपी भेटी वेळार डॉ जयशंकर पॅरिसांत फ्रेंच फुडाऱ्यांक मेळटले आनी आपल्या समपदस्थ जीन नोएल बॅरोटा कडेन उलोवणी करतले. भारत-फ्रांस रणनितीक भागीदारी खाला जाल्ली उदरगत आनी संवसारीक म्हत्वाच्या गजालींचेर भासाभास करतले. फ्रेंच राजदूत परिशदेच्या 31व्या आवृत्तींतय डॉ जयशंकर सन्माननीय सोयरे म्हूण मार्गदर्शन करतले अशें विदेश वेव्हार मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां.

मनरेगा भ्रश्टाचाराचो पर्याय जाल्लो, जंय कामगारांक खुबदा कुशीक काडटालें आनी तांचे शोशण जाताले अशें ग्रामीण उदरगत मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगलां. ते आयज नवी दिल्लींत पत्रकार परिशदेंत उलयताले. कॉँग्रेस विकसित भारत रोजगार आणि उपजीविका हमी अभियान-ग्रामीण-जी राम जी कायद्याबद्दल जनतेची दिशाभूल करता अशे तांणी म्हळें. पार्टी मनरेगा न्हय, तर तातल्या भ्रश्टाचाराची राखण करपाचो यत्न करता असो आरोप तांणी केला.

विकसित गावाच्या माध्यमातल्यान विकसित भारताची संकल्पना तांणी अधोरेखित केली आणि शाश्वत परिणामांक फाठबळ दिवपाखातीर ग्रामीण रोजगारा खातीरच्या निधीत लक्षणीय वाढ केल्ल्याचे तांणी सांगले.